Panaji National Bulletin 8th January 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमात 2 लाख कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचे उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले.

- भुवनेश्वरांत आयज अठराव्या प्रवासी भारतीय दिवस परिशदेची सुरवात जाता.

- एक राष्ट्र एक वेंचणूक संबंदीत दोन विधेयकांचेर संयुक्त संसदीय समिती म्हळ्यार जेपीसीची पयली बसका आयज जातली.

- केंद्रान व्ही नारायणन हांची भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था (ISRO) चे नवे अध्यक्ष आणि अवकाश विभागाचे सचिव म्हणून नियुक्ती केल्या.

- इंडियन सुपर लीग फुटबॉल सर्तींत, आज गोंयच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमाचेर एफसी गोंवा हैदराबाद एफसी आड खेळटलो.

**PM - 80**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज आंध्र प्रदेशांतल्या विशाखापत्तनमात 2 लाख कोटी रुपयां परस चड मोलाचे प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले,उक्तावण करतले, आनी बुन्याद घालतले. मोदी विशाखापत्तनमा लागसार पुडीमाडका हांगा अत्याधुनीक एनटीपीसी ग्रीन एनर्जी लिमिटेडच्या ग्रीन हायड्रोजन हब प्रकल्पाचो बुन्याद घालतले. नॅशनल ग्रीन हायड्रोजन मिशन खाला हें पयलें ग्रीन हायड्रोजन हब आसतलें. ह्या प्रकल्पाचेर सुमार एक लाख 85 हजार कोटी रुपयांची गुंतवणूक जातली.तशेंच प्रधानमंत्री आंध्र प्रदेशांत 19,500 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या रेल्वे आनी रस्तो प्रकल्पांचें उक्तावण करतले, राष्ट्राक समर्पीत करतले आनी बुन्याद घालतले.

**REV. PRAVASI BHARATIYA DIVAS - 80**
भुवनेश्वरांत आयज अठराव्या प्रवासी भारतीय दिवस परिशदेची सुरवात जाता. 75 देशांतले सुमार स हजार भारतवंशी हे परिशदे खातीर स्वदेशात येतात. ओडिशा सरकार अनिवासी  भारतीयांक राज्यांतल्या गिरेस्त संस्कृतायेची आनी दायजाची झलक सादर करतले. संमेलनाची सुरुवात युवा प्रवासी भारतीय दिवसा वरवीं जातली. राज्य सरकारान युवा व्यवहार आनी खेळां मंत्रालयाच्या सहकार्यान हाचे आयोजन केला. केंद्रीय मंत्री एस. जयशंकर, पवित्रा मार्गेरिटा, मनसुख मांडविया आनी रक्षा निखिल खडसे आनी ओडिशाचे मुख्यमंत्री मोहन चरण माझी आज युवा प्रवासी भारतीय दिवसाक हाजीर रावपाचे आसात.

**JPC - ONE NATION ONE ELECTION - 140**
एक राष्ट्र एक वेंचणूक संबंदीत दोन विधेयकांचेर संयुक्त संसदीय समिती म्हळ्यार जेपीसीची पयली बसका आयज जातली. ह्या विधेयकांक अधिकृतपणान संविधान (एकशें एकुणिसावी दुरुस्ती) विधेयक, 2024 आनी केंद्र शासित प्रदेश कायदे (दुरुस्ती) विधेयक, 2024 अशें नांव दिलां. कायदो आनी न्याय मंत्रालयाचे (विधी खातें) प्रतिनिधी वांगड्यांक प्रस्तावीत कायद्यांतल्या तरतुदीं विशीं म्हायती दितले. 39 वांगडी समितींत लोकसभेचे 27 वांगडी आनी राज्यसभेचे 12 वांगडी आसात. फुडल्या संसदी अधिवेशनाच्या निमाण्या सप्तकाच्या पयल्या दिसा मेरेन समिती आपलो अहवाल सादर करतली. ह्या पॅनलांत भाजपाचे फुडारी पीपी चौधरी, अनुराग सिंग ठाकुर, आनी परषोत्तंभाई रुपाला, काँग्रेसीचे फुडारी प्रियंका गांधी आनी मनीष तिवारी, टीएमसीचे कल्याण बॅनर्जी, NCP (सपा)च्यो सुप्रिया सुले आनी हेर लोकसभेचे वांगडी आसात. राज्यसभेंतले भाजपाचे घनश्याम तिवारी, भुवनेश्वर कलिता आनी के.लक्ष्मण आनी काँग्रेसीचे रणदीप सिंग सुरजेवाला आनी मुकुल बालकृष्ण वास्निक आनी जदयूचे संजय कुमार झा आनी वायएसआर काँग्रेसीचे व्ही. विजयसाई रेड्डी आनी हेर ह्या संयुक्त संसदीय समितीचे वांगडी आसात.

SHAH-YOGI MEETING - 160

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हाणी म्हळां, तीन नवे फौजदारी कायदे ख्यास्त केंद्रीत नासून पीडित केंद्रित आसात आणि तांचो उद्‌देश बेगीन न्याय सुनिश्चित करप आसा. उत्तर प्रदेशात तीन कायद्‌यांच्या अंमलबजावणीबाबत नवी दिल्लीत उत्तर प्रदेशचे मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ यांच्यासोबत आढावाहांच्या बरोबर जाल्ल्या नियाळ बसके वेळार तांणी हे सांगले. अंदू मार्च मेरेन उत्तर प्रदेशांतल्या सगल्या सात आयुक्तांनी नव्या गुन्यांवकारी कायद्‌यांची शंबर टक्के अंमलबजावणी सुनिश्चीत करची हाजेर शाह हाणी भर दिलो. उत्तर प्रदेशा सारक्या व्हड लोकसंख्या आशिल्ल्या राज्यांनी नवे गुन्यांवकारी कायदे पुरायपणान चालीक लायल्यार पुराय देशांत सकारात्मक संदेश वातलो अशें तांणी सांगलें. तंत्रगिन्यानाचो वापर वाडोवपाच्या गरजे विशी उलयतना शाह हाणी सांगलें, राज्यांतल्या दरेका जिल्हयांत एका परस चड फॉरेंसिक मोबायल व्हॅन उपलब्ध आसपाक जाय. एकूण नोंदणीकृत zero एफआयआरपैकी कितल्यो संबंधित राज्यांक हस्तांतरित केल्यात हाचे नियमित आणि सतत निरीक्षण आसपाक जाय, अशे मंत्र्यांनी नमूद केले. तांणी मुख्यमंत्र्यांक दर १५ दिसांनी कायद्‌यांच्या अंमलबजावणीच्या प्रगतीचो नियाळ घेवपाचे आवाहन केले. तशेंच राज्याचे मुखेल सचीव आनी पुलीस महासंचालक हांकां संबंदीत सगल्या खात्याच्या अधिकाऱ्यां कडेन सप्तकांतल्यान एक फावट नियाळ वपाक तांणी सांगलें.

**ISRO - NEW CHAIRMAN - 60**

केंद्रान व्ही नारायणन हांची  भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था (ISRO) चे नवे अध्यक्ष आणि अवकाश विभागाचे सचिव म्हणून नियुक्ती केल्या. नारायणन 14 जानेवारीक पदभार सांबाळतले. ते इस्रोचे सध्याचे अध्यक्ष एस. सोमनाथ हांचो जागो घेतले. नारायणन सध्या केरळांतल्या वलियामालात इसरोच्या द्रव प्रणोदन प्रणाली केंद्र - LPSC चे संचालक आसात. रॉकेट आनी अंतरिक्षयान प्रणोदनाच्या मळार एक नामनेचे शास्त्रज्ञ म्हूण ताका सुमार चार दशकांचो अणभव आसा.

**MAHA KUMBH - 55**

उत्तर प्रदेश राज्य रस्तो येरादारी म्हामंडळ प्रयागराजांतल्या महाकुंभ मेला वेळार भक्तांक  सुरळीत  हालचाल करपाक मेळची हे खातीर इलेक्ट्रीक बशी चलयतले.

यात्रेकरूंच्या प्रचंड गर्दीचे व्यवस्थापन करपा खातीर महाकुंभ वाठारा भितर 7 हजार ग्रामीण बशी आनी 350 शटल बशी तैनात करतले. मजगतीं, उत्तर प्रदेश पुलिसांनी मेला वाठारांत खास करून संगमा भोंवतणी सखोल तपासणी मोहीम सुरू केल्या.

GADKARI- ROAD SAFETY - 110
केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी पुराय भारतात ड्रायव्हर प्रशिक्षण संस्था -DTIs च्या स्थापनेखातीर एक येवजन जाहीर केली. या येवजने अंतर्गत DTI स्थापन करपाखातीर प्रोत्साहन आणि ऑटोमेटेड टेस्टिंग स्टेशन्स -ATS आणि DTI च्या एकात्मिक पायाभूत सुविधांखातीर अतिरिक्त प्रोत्साहन दितले. पत्रकार परिशदेंत उलयतना तांणी सांगलें, देशांत कुशळ वाहन चालकांचो उणाव आसा आनी देशांत चड वाहन चालक प्रशिक्षण केंद्रां उबारपाक सरकार कटिबद्ध आसा.
सगळ्या राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या येरादारी मंत्र्या कडेन जाल्ले बसकेंत रस्त्याचे सुरक्षेक सगळ्यांत चड प्राधान्य आसा अशें गडकरी हांणी सांगलें. येरादारी क्षेत्रांतल्या रुपांतरा विशीं उलयतना तांणी सांगलें की, बसकेंत देशांतल्या रस्तो आनी येरादारी क्षेत्रांत बदल घडोवन हाडपा खातीर सगळ्या तरांचे प्रस्न, उपाय, आनी पावलां हांचेर चर्चा जाली.

VAISHNAW-AUTO CAB DRIVERS - 100
केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी दिल्ली भाजपाचे अध्यक्ष वीरेंद्र सचदेव हांणी काल नवी दिल्ली रेल्वे स्टेशनाचेर रेल्वे कुली आनी ऑटो कॅब ड्रायव्हरांक मेळून तांचे प्रस्न आयकले. दिल्ली मंडळ कूली युनियनाच्या स मागण्यांचे आनी दिल्ली ऑटो ड्रायव्हर युनियनाच्या पांच मागण्यांचे निवेदन रेल्वे मंत्र्या कडेन सादर केले.काळ्या-हळडुव्या टॅक्सी आनी ऑटोरिक्शांचो पार्किंग शुल्क उणो करपाची एक मुखेल मागणी श्री वैष्णवान रोखडीच मान्य केली. ऑटोरिक्शा पार्किंग शुल्क 708 रुपया वयल्यान 200 रुपया आनी काळ्या हळडुव्या रंगाचें टॅक्सी पार्किंग शुल्क 1800 रुपया वयल्यान 400 रुपया मेरेन उणें केलां. पोर्टर्स

युनियन आनी ऑटो ड्रायव्हरांची मागणी बेगीन सुटावी जातली हाचीय खात्री केंद्रीय मंत्र्यांनी दिल्या.

Mandviya – 75
असंघटीत क्षेत्रांतले 30 हजारां परस चड कामगार दर दिसा ई-श्रम पोर्टलाचेर नोंदणी करतात अशें कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी सांगले. डॉ मंडवीया हाणी काल नवी दिल्लींत ई-श्रम पोर्टलाची बहुभाषी कार्यक्षमताय सुरू केली. पोर्टलाचेर नोंदणी केल्यार समाजीक सुरक्षा येवजण्यो आनी उपक्रमांच्या विस्तृत श्रेणींत प्रवेश मेळटलो अशें तांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. केंद्रीय मंत्र्यांनी सगळ्या असंघटित कामगारांक तांच्या कल्याणाखातीर, उपजीविकेखातीर आणि कल्याणाखातीर तयार केलल्या विविध सरकारी येवजनांचो लाव देवपाखातीर ई-श्रम पोर्टलचेर नोंदणी करपाचे आवाहन केले.

**Delhi – 135**
वेचणूक आयोगान काल 70 वांगडी दिल्ली विधानसभा वेचणुकीचे वेळापत्रक जाहीर केले.5 फेब्रुवारीक मतदान जातलें आनी 8 फेब्रुवारीक मतमेजणी जातली. काल नवी दिल्लींत पत्रकारांक संबोधीत करतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांणी सांगलें, ही अधिसुचोवणी 10 जानेवारीक जारी जातली आनी नामांकनाची निमाणी तारीक ह्या म्हयन्याची 17 तारीख आसतली. राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींत एक कोटी 55 लाखां परस चड मतदारांखातीर 13 हजार 33 मतदान केंद्रां उबारतले अशें कुमार हांणी सांगलें.